15.10.2025 7.20PM

- गोंयच्या राजकारणाचेर आपली छाप सोडपी आणि लोकांच्या मनांत खोलायेन रुजील्ल बहुजन समाजाचे एक बरे फुडारी रवी नाईक हांका दिलो निमनो निरोप
- आदले राष्ट्रपती डॉ. ए पी जे अब्दुल कलाम हांची आज  जयंती
- फुडल्या सप्तकांत दिवाळीची परब मनयतले. ह्या खातीर पुराय गोंयांत दिवाळेची तयारी सुरु जाल्या.
- आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव २० नोव्हेंबर ते २८ नोव्हेंबर मेरेन पणजेत तयारी नेटान

<u>प्रसाद /डेस्क 300</u>

गोंयचे शेती मंत्री आनी आदी दोन फावट मुख्यमंत्री आशील्ले रवी नायक हांकां पिरायेच्या 79 व्या वर्सा काळजाचो आताकान काल मरण आयले. गोंयच्या राजकारणाचेर आपली छाप सोडपी आणि लोकांच्या मनांत खोलायेन रुजील्लो बहुजन समाजाचे एक बरे फुडारी म्हणून ताची नामना आशिल्ली. ताका निमाणी आर्गा  ओपपा खातीर बिरेस्तारा सकाळीं सावन खडपाबंध फोंडांतल्या ताच्या राबित्या घराकडे गर्दी जाल्ली. खडपाबंध हांगाच्या कार्यालया फाटल्यान खाजगी सुवातेर पुराय राजकीय सन्मानान त्यांच्या कुडीचेर निमणे संस्कार केले. रवी नायक पयलेच खेपे 1984 वर्सा विधानसभेंत वेंचून आयले आनी 1989 वर्सा मडकय मतदारसंघांतल्यान परत वेंचून आयले.तशेच  1999, 2002, 2007 वर्सा ते परतून वेंचून आयले. गोंयच्या राजकारणांत तानीं आमदार, मंत्री, मुख्यमंत्री, खासदार, उपमुख्यमंत्री, विरोधी पक्ष फुडारी अशीं जायतीं पदां सांबाळ्ळीं. भंडारी समाजाक राजकारणात खूब म्हत्वाची सुवात दिवपी फुडारी म्हणून रवि नायक फामाद आशील्ले.

फोंडा शहराक फामाद शिक्षणीक केंद्र करपाक तानी खाशेलें योगदान दिलां. फोंडा शाराच्या उदरगतीचो शिल्पकार म्हणून तांका वळखतात. त्यांच्या फाटल्यान तांचो पूत आनी फोंडा नगरपालिकेचो आदलो नगराध्यक्ष आनी सध्याचो नगरसेवक रितेश नायक, नगरसेवक रॉय नायक, घरकांन पुष्पा नाईक, सून आनी नातरा आसात.

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत, भाजपा प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, वीज मंत्री सुधीन धवलीकार, भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे, आमदार गोविंद गावडे, आमदार देवीया राणे, आदले मुख्यमंत्री प्रतापसिंह राणे, आदले मंत्री महादेव नायक, आदले खासदार नरेंद्र सावयकर, मागो पार्टीचे अध्यक्ष दीपक ढवलीकार आनी हेर जायत्या फुडाऱ्यांनी सकाळीं सावन ताच्या कुडीचे  दर्शन घेवन आर्गा ओपली. शेतीमंत्री रवी नाईक हांच्या मरणाचेर राज्य सरकारान शोक परगटायला आनी तीन दिसांचो राज्य दुखवटो जाहीर केला. तांच्या समानार्थ तिरंगो अर्धार हुबयला आनी सरकारी कार्यालय आनी आस्थापनांक सुटी जाहीर केल्या अशी अधिसुचोवणी भौशिक कार्मिक खात्या वरवी जारी केल्या. तांच्या मरणाच्या शोक परगटनाच्या फांटभुयेर राज्यात तीन दिस शासकीय पावंड्याचेर कसलेच मनरिजवणीचे कार्यक्रम जावचे ना. हे विशी दुख उक्ताय्ताना मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हाणी म्हणले

मंत्री रवी नाईक हांच्या मरनाचेर भलायकि मंत्री विश्वजी राणे हाणी म्हणले BYTE केंद्रीय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद एसो नाईक हानीय मंत्री रवी नाईक हांच्या मरणाचेर दुख उक्त्याताना म्हणले byte प्रधान मंत्री नरेंद्र मोडी हनीय रवी नाईक हांच्या मरणाचेर दुख उक्तायला

<u>कलाम 80</u>

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी आज फामाद शास्त्रज्ञ, भारतरत्न आणि आदले राष्ट्रपती डॉ. ए पी जे अब्दुल कलामांच्या जयंतीनिमित्त  तांका आदरांजली ओपली. सोशल मीडिया संदेशात प्रधान मंत्र्यान म्हणले की, डॉ. कलाम हे एक दूरदर्शी आशिल्ले ज्यांनी तरणाट्यांच्या मनात जागृती निर्माण केली आणि देशाक व्हड स्वप्न पळोवपाची प्रेरणा दिली. त्यांचे जीवन लोकांक याद करून दिता की नम्रता आणि कठोर परिश्रम यशा खातीर अत्यंत महत्त्वाचे आसात. त्यांनी ज्या भारताची कल्पना केल्ली - तो मजबूत, स्वावलंबी आणि दयाळू भारत.अशीच निर्मिती करत रावपाची आशा त्यांनी व्यक्त केली.

35

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

GST सुभाष 90

सरकारान सुरू केल्यो  वस्तू आणि सेवा कर सुधारणाक लागून  २२ सप्टेंबर सावन गिरायकांच्या दिसपट्यां वापराच्या वेगवेगळ्या वस्तूं वेलो कर दर कमी जाले. या सुधारणांचो थेट फायदो ८ कोटीं परस अधिक ग्रामीण शेतकरी कुटुंबांक जातलो खास करून ल्हान, सीमांत आणि भूमिहीन कामगारांक, जे त्यांच्या उपजीविकेखातीर दुधाळ जनावरा पाळतात आणि गिरायकांक व्हडा प्रमाणात आधार दितात. जीएसटी कौन्सिलान अ/प्रत्यक्ष कर प्रणाली ५ टक्के, १२ टक्के, १८ टक्के आणि अट्टवीस टक्के अशा चार-स्तरीय रचनेतल्यान ५ टक्के आणि १८ टक्के अशा दोन-स्तरीय रचनेत सुलभ केल्या. भारतीय किसान संघाच्या श्रीरंग जांभळे हाणी GST सुदारणा विशी सांगले byte

सुशांत 110

फुडल्या सप्तकांत दिवाळीची परब मनयतले. ह्या खातीर पुराय गोंयांत दिवाळेची तयारी सुरु जाल्या. दिवाळे निमतान गोंयांत वेगवेगळ्या सुवातींनी मडगावसयत दक्षिण गोंयांतल्यो वेगवेगळ्यो बाजारपेठो दिवाळेच्या सामानान सजल्यात. आकाश दिवे, पणट्यो, दिवाळेचो फराळ आनी हेर सामानान दुकाना भरिल्ली आसात. ते खातीर पुराय दक्षिण गोंयांत एक वेगळेच उमेदीचे वातावरण तयार जाला. आयतार १९ ऑक्टोबराच्या राती गोंयांतल्या वेगवेगळ्या सुवातींनी नरकासूर सर्ती जाल्ल्यो.. हेच फाटभुंयेचेर १५ आॅक्टाेबरासावन तिस्क - सावर्डे हांगा धा दिसांचो सांस्कृतिक उत्सव सुरु जाला आणि  २५ ऑक्टोबरमेरेन हो उत्सव चालू उरतलो. शाळेच्या विद्यार्थ्यांक दिवाळेच्या निमतान सुरु जाल्ली सुटी आनी दिवाळेक जावपी खरेदी हे दोन मुखेल हेतू लक्षात दवरुन हो उत्सव तिस्क-सावर्डे हांगाच्या वक्रतुंड क्रीडा

आनी सांस्कृतिक मंडळ हांणी कला आनी संस्कृती खात्याच्या पालवान हो उत्सव आयोजीत केला

सुशांत 100

पुरातत्व म्हत्व आशिल्ल्या पारोडा-केपे हांगाच्या श्री चंद्रेश्र्वर भूतनाथ मंदीर वाठारात जे सोबितीकरणाचे काम केला ते पर्यावरणाचे नेम पायातळा घालून केल्ल्याची कागाळ मुंबय उच्च न्यायालयामुखार केल्या उपरांत हया न्यायालयाच्या आदेशान आयज जोड समितीकडल्यान हया वाठाराची पळाेवणी केली. हेविशींची फुडली सुनावणी १० नोवेंबराक जातली  ही समिती आपलो अहवाल आता न्यायालयामुखार सादर करपाची आसा.

हे सोबितीकरणाचे काम करताना बेकायदेशीररित्या दोंगर कापला आनी स्फोटकां वापरुन फातर फोडल्यात अशी कागाळ करुन शेल्डे-केपे हांगाचे वावुरपी आदित्य देसाय हांणी मुंबय उच्च न्यायालयात भौशीक हिताची याचिका दाखल केल्ली. त्या उपरांत न्यायालयान हया सुवातेची पळाेवणी करची असो आदेश दिल्लो. ही पळोवणी करपाखातीर पुरातत्व खात्याचे संचालक निलेश फळदेसाय, याचिकादार आदित्य देसाय तसेच पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचे प्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले.

Ganesh 50

इफीची तयारी नेटान सूरू आसून दरवर्साप्रमाण आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव २० नोव्हेंबर ते २८ नोव्हेंबर मेरेन पणजेत जातलो. अंदू जावपी 56व्या संवसारीक चित्रपट महोत्सवात दर वर्साप्रमाण गोंयच्या चित्रपटां खातीर खाशेलो फाटो आसतलो. मराठी/कोकणी चित्रपट निर्मात्यांनी 30 ऑक्टोबर 2025 मेरेन प्रवेशिका सादर करपा सयत सादरीकरण करप आवश्यक आसा.
चित्रपट प्रतिनिधीं सयत आता माध्यम प्रतिनिधींची नोंदणी सुरू जाल्या.

सुशांत 45

नामनेचे सिनेमोटोग्राफर आनी मडगावचे सुपुत्र के. वैकुंठ हांच्या जल्मशताद्बी वर्सानिमित्त मडगाव स्पंदन हे संस्थेवतीन शेनवार १८ ऑक्टोबराक द. मॅजिक ऑफ के वैकुंठ सॉंग्स् ही गीतांची कार्यावळ आयोजित केल्या. फातोर्डा हांगाच्या हॉटेल

शिंक्रो सभाघरात ही कार्यावळ जातली. ह्यावेळार के. वैकुंठ हांणी चित्रीत केल्ल्या चित्रपटातली कांय गीतां पडद्याचेर दाखयतले.

डेस्क 80

फातोड्डेच्या नेहरु स्टेडियमाच्या वेस्ट स्टँडाक आदले खेळामंत्री फ्रान्सिस माँत क्रूझ हांचे नाव दिवपाचो सुवाळो जालो. आशिया करंड पात्रताय फुटबॉल सर्तीचो भारत आनी सिंगापूर हांचेमदलो खेळ मंगळारा ह्या स्टेडियमार जालो. ह्याच म्हूर्ताचेर मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांचे उपस्थितीत फ्रान्सिस माँत क्रूझ हांच्या नावाची पाटी ह्या स्टँडाचेर लायली. ह्यावेळार खेळामंत्री रमेश तवडकार, भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत तसेच फातोड्डेचे आमदार विजय सरदेसाय हाजीर आशिल्ले. फातोड्डेचो हो स्टेडियम माँत क्रूझ खेळामंत्री आसताना स म्हयन्यांच्या विक्रमी वेळेत बांदून तयार केल्लो. ताची याद म्हूण ह्या स्टँडाक तांचे नाव दिला.

क्रिकेट 40

गोंय क्रिकेट संघटणेन 2025-26च्या हंगामा खातीर वरिश्ठ रणजी पंगडाची आनी 23 वर्सा पिराये सकयल्या दादल्यांच्या पंगडाची घोशणा केली.

तापमान 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३४.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25.२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी गडगड आणि झग्लाव्ने सयत हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता